# अभियंता दीस कार्यक्रमात उदकास्त्रोत मंत्र्यांच्या हस्तुकीं अभियंत्यांचो सत्कार

ता. 16 सप्टेंबर 2025

सरकारी अधिकाऱ्यांक तांचे काम आनी कर्तव्य योग्य तरेन करपाक सोपे जावचे खातीर तांच्या कामाखातीर स्पश्ट मार्गदर्शक तत्वां लागू करपाची गरज आसून कामाचो प्राधान्यक्रम, तांची भूमिका वा विशेश उद्दीश्ट थारावप अशा गजालींचो मार्गदर्शक तत्वांनी आस्पाव आसपाक जाय, अशें जलसंपदा मंत्री श्री सुभाष शिरोडकर हांणी सांगलें.

जलसंपदा मंत्री श्री सुभाष शिरोडकर काल पर्वरी हांगाच्या सिंचाई भवनात आयोजीत अभियंता कार्यक्रमात मुखेल सोयरे म्हूण उलयताले. भारतातले म्हान अभियंते आनी दूरदर्शी श्री. मोक्षगुंडम विश्वेश्वरय्या हांच्या जयंती निमतान हो दीस मनयतात.

कार्यक्रमाक उदकास्त्रोत खात्याचे सचीव श्री सरप्रीत सिंग गिल, खात्याचे मुख्य अभियंता ज्ञानेश्वर सालेलकर, अतिरिक्त मुख्य अभियंता अंकुश गावकर, कार्यक्रमाचे मुखेल वक्ते गोय अभियांत्रिकी महाविद्यालयाचे प्राध्यापक डॉ. पूर्णानंद सावईकर, निवृत्त मुख्य अभियंता श्री प्रमोद बदामी, श्रीमती स्मिता देसाय आनी हेर अधिकारी उपस्थित आशिल्लें.

फुडें उलयतना श्री सुभाष शिरोडकर हांणी मोक्षगुंडम विश्वेश्वरय्या आनी डॉ. राधाकृष्णन ह्या म्हान व्यक्तिंचो उगडास करून विश्वेश्वरय्या हांणी अभियांत्रिकी आनी राजकीय मळार आनी राधाकृष्णन हांणी तत्वज्ञान आनी शिक्षणाच्या मळार देशाच्या उदरगतीक मोलादीक योगदान दिल्ल्याचे सांगलें.

उदकास्त्रोत खात्याचे सचीव श्री सरप्रीत सिंग गिल हांणी देशाच्या उदरगतीत अभियंत्यांचे योगदान म्हत्वाचे आशिल्ल्याचे सांगून खंयचोय प्रकल्प चालीक लायतना अभियंत्याची संबंदीत क्षेत्रातली वैज्ञानिक आनी गणितीय तत्त्वां आनी तंत्रज्ञानाचो अभ्यास म्हत्वाचो आसा. पायाभूत सुविधांच्या शाश्वत विकासा खातीर अभियंत्याचे योगदान मोलादीक आसा, अशें तांणी सांगलें.

गोय अभियांत्रिकी महाविद्यालयाचे प्राध्यापक डॉ. पूर्णानंद सावईकर हांणी हरीत आनी शाश्वत फुडारा खातीर सैम आनी शाश्वतता हांचे एकत्रीकरण ह्या विशयाचेर उलवप करतना कार्बन फूटप्रिंट-प्रदुशण कमी करप ही काळाची गरज आशिल्ल्याचें सांगलें.

खात्याचे मुख्य अभियंता ज्ञानेश्वर सालेलकर हांणी सुरवातीक मानेस्तांक येवकार दिलो. साईश लवंदे कार्यक्रमाचे सूत्रसंचालन केले आनी श्री जेसन मिनेझिस हांणी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/751

--

-----------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.